# सायबर कॅफे मालकांनी गिरायकांची वळख सिध्द करपाचो आदेश

ता. 26 जुलय 2017

4 श्रावण 1939

उत्तर गोंय जिल्होधिका-यान सुरक्षेच्या कारणाखातीर उत्तर गोंयातल्या सगळयां सायबर कॅफे मालकांक आपल्याकडेन येवपी गिरायकांची वळख सिध्द करून तांची म्हायती रजिस्टरात नोंद करपाचो आदेश दिला. तशेंच अनवळखी गिरायकांक वळख सिध्द केल्याबगर सायबर कॅफे सुविधांचो वापर करपाक दिवचे न्हय. गिरायकांक आपल्या हस्ताक्षरान रजिस्टरात नाव, पत्तो, फोन नंबर आनी वळखपत्राची म्हायती बरोवपाक सांगचे. वळख पटोवपाखातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, पासपोर्ट हयासारखे सरकारी वळखपत्र मागचे. तशेच सर्व्हर लॉगातली म्हायती सांबाळून दवरची आनी गिरायकाविशी कसलोय दुबाव आयल्यार लागीच्या पुलीस नियंत्रण कक्षाकडेन संपर्क करचो.